Panaji National 2nd July 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज घाना, त्रिनिडाड-टोबैगो, अर्जेंटीना, ब्राजील आनी नामबिया ह्या पांच देशाच्या भेटेर वतले.
- केंद्रीय मंत्रिमंडळान काल देशात रोजगार निर्मितीक चालना दिवपाखातीर सुमारे एक लाख कोटी रुपयांच्या रोजगार-संबंधित प्रोत्साहन येवजनेक मान्यताय दिल्या.
- जम्मू-काश्मीराचे नायब राज्यपाल मनोज सिन्हा हाणी आयज सकाळीं अमरनाथ यात्रा यात्रेकरुंच्या पयल्या गटाक पांचवो बावटो दाखयलो.
- भारतीय हवामान खात्यान  हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, उत्तर प्रदेश, मध्य प्रदेश आणि गुजरात, राजस्थान आणि महाराष्ट्राच्या कांय वाठारां सयत उत्तर आनी मध्य भारतांत पावसाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला.
- बायलांच्या टी-20 क्रिकेट माळेत काल रातीं ब्रिस्टलच्या काउंटी मैदानाचेर जाल्ल्या दुसऱ्या मॅचींत भारतीय पंगडान इंग्लंडाक 24 धांवड्यांनी हारयलो. भारतान ह्या खेळामाळेत आता २-० अशी आघाडी घेतल्या.

PM – 265

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज घाना, त्रिनिडाड-टोबैगो, अर्जेंटीना, ब्राजील आनी नामिबिया ह्या पांच देशाच्या भेटेर वतले. पांच राश्ट्रांच्या भोंवडेच्या पयल्या पांवड्यात प्रधानमंत्री जुलयाच्या 2 ते 3 मेरेन घानाक भेट दितले .घानाक ही ताची पयली द्विपक्षीय भेट आसतली आनी प्रधानमंत्री घानाचे राष्ट्रपती जॉन ड्रामानी महामा हांचे कडेन उलोवणी करतले. दोनूय राश्ट्रां घटमूट द्विपक्षीय भागीदारीचो नियाळ घेतले आनी अर्थीक, उर्जा, आनी संरक्षण सहकार्य, आनी उदरगत सहकार्याची भागीदारी वाडोवपा खातीर फुडल्या मार्गांचेर चर्चा करतले.

आपल्या भेटीच्या दुसऱ्या टप्प्यांत मोदी 3 ते 4 जुलय मेरेन त्रिनिदाद आनी टोबॅगोक अधिकृत भेट दितले. ह्या भेटी वेळार मोदी त्रिनिदाद आनी टोबॅगोच्यो राष्ट्रपती

क्रिस्टीन कार्ला कंगालू, आनी प्रधानमंत्री कमला पेरसाद-बिसेसर हांचे कडेन उलोवणी करतले. तशेंच त्रिनिदाद आनी टोबॅगोचे संसदेच्या संयुक्त अधिवेशनांत प्रधानमंत्री उलोवपाचे आसात.

आपल्या भेटीच्या तिसऱ्या पावडयात प्रधानमंत्री मोदी 4 ते 5 जुलय मेरेन आर्जेन्टिनाक वतले. प्रधानमंत्री राष्ट्राध्यक्ष मिलेय हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले अशी अपेक्षा आसा. दोनूय फुडारी चालू आशिल्ल्या सहकार्याचो नियाळ घेतले आनी संरक्षण, शेतकी, खण, तेल आनी वायू, नवीकरणीय उर्जा, वेपार आनी गुंतवणूक अशा मुखेल वाठारांनी भारत-आर्जेन्टिना भागीदारी आनीक वाडोवपाचे मार्गांचेर चर्चा करतले.

आपल्या भेटीच्या चवथ्या पावडयात प्रधानमंत्री 5 ते 8 जुलय मजगती 17व्या ब्रिक्स शिखर सभेंत वाटो घेवपा हेतान ब्राझीलाक वतले. प्रधानमंत्री मोदी हांची ब्राझीलाक ही चवथी भेट आसतली. 17 वी ब्रिक्स फुडाऱ्यांचें शिखर परिशद रिओ द जानैर हांगा जातली आनी शिखर सभे वेळार प्रधानमंत्री जागतीक प्रशासनांत सुदारणा, शांतताय आनी सुरक्षा, बहुपक्षीयताय घटमूट करप, कृत्रीम बुद्धीमत्तेचो जबाबदार वापर, हवामान कृती, संवसारीक भलायकी, आनी अर्थीक बाबी ह्या सारख्या मुखेल जागतीक मुद्द्याचेर विचार विनिमय करतले.

ताच्या भेटीच्या निमाण्या टप्प्यांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ९ जुलयाक नामबियाक भेट दितले. प्रधानमंत्र्याची हि पयली नामिबिया भेट आसतली. ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री राष्ट्राध्यक्ष नंदी-नदैतवाह हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले.

Cabinet – 145

केंद्रीय मंत्रिमंडळान काल देशात रोजगार निर्मितीक चालना दिवपाखातीर सुमारे एक लाख कोटी रुपयांच्या रोजगार-संबंधित प्रोत्साहन येवजनेक मान्यताय दिल्या. काल नवी दिल्लींत मंत्रीमंडळाच्या निर्णयां विशीं मिडियाक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें,दोन वर्सांच्या काळांत देशांत साडेतीन कोटी परस चड नोकऱ्यो निर्माण करपाक प्रोत्साहन दिवप हो हे येवजणेचो हेत आसा. तातूंतले एक कोटी 92 लाख लावार्थी पयलेच खेपे नोकरी करपी आसतले.

नॅशनल फ्रंट ऑफ इंडियन ट्रेड युनियन्सचे सरचिटणीस डॉ. विराट जयस्वाल हाणी हे एक ऐतिहासिक पावल अशे म्हळां.

मंत्रिमंडळान राष्ट्रीय क्रीडा धोरण २०२५ हाकाय मान्यता दिल्या, ज्याचो उद्देश देशाच्या क्रीडा क्षेत्रात परिवर्तन घडोवन हाडप आणि क्रीडा क्षेत्रात अधिकाधिक लोकसहभागाक प्रोत्साहन दिवप आसा.

मंत्रिमंडळान एक लाख कोटी रुपयांच्या निधीसयत संशोधन विकास आणि नवोन्मेष येवजणेक मान्यताय दिल्या अशी माहिती वैष्णव हाणी दिली. तमिळनाडूंत एक हजार 853 कोटी रुपया खर्च करून चार लेन परामाकुडी-रामनाथपुरम विभाग बांदपा खातीर केंद्रीय मंत्रीमंडळानय मान्यताय दिल्या अशें वैष्णव हांणी सांगलें.

Misri – 55

मॉरिशसाचे अधिकृत भोंवडेर आशिल्ले परराश्ट्र सचीव विक्रम मिसरी हांणी मॉरिशसाच्या वरिश्ठ फुडाऱ्यांची भेट घेतली. मॉरिशसाचे राष्ट्रपति धरमबीर गोखूल, प्रधानमंत्री डॉक्टर नवीनचंद्र रामगूलाम, उप-प्रधानमंत्री पॉल बेरेन्जर आनी विदेश मंत्री धनंजय रामफूल हांची तांणी भेट घेतली. तशेंच परराश्ट्र सचीव मॉरिशसाच्या हेर म्हत्वाच्या फुडाऱ्यांक आनी अधिकाऱ्यांक मेळ्ळे. मॉरिशसाच्या प्रधानमंत्र्या कडेन जाल्ले बसकेंत परराश्ट्र सचीवान द्विपक्षीय सहकार्याच्या सगळ्या प्रस्नांचेर भासाभास केली.

Kolkata – 40

अस्तंत बंगालांतल्या अलीपूर न्यायालयान दक्षिण कलकत्ता कायदो म्हाविद्यालयांतल्या कथित बलात्काराच्या तीन आरोपींक ह्या म्हयन्याचे 8 मेरेन पुलिसांच्या कोठडीत धाडल्यात. सुरक्षा रक्षकाक 4 जुलय मेरेन पुलिस कोठडीत धाडला. मजगतीं, म्हाविद्यालय प्रशासनान मुखेल आरोपी तशेंच दोन आरोपी विद्यार्थ्यांक निलंबीत केल्यात.

Amarnath Yatra – 120

"बम बम भोले" आणि "हर हर महादेव" च्या जयघोषात,जम्मू-काश्मीराचे नायब राज्यपाल मनोज सिन्हा हाणी आयज सकाळीं भगवती नगरांतल्या यात्री निवास बेस कॅम्पांतल्यान अमरनाथ यात्रा यात्रेकरुंच्या पयल्या गटाक पांचवो बावटो दाखयलो. वट्ट 5892 यात्रेकरू देगणांत वचपाक गेल्यात तातूंतल्या 2489 यात्रेकरु बाल्टाल मार्गांतल्यान यात्रा करतले जाल्यार 3403 जाण पवित्र गुहेत पावपा खातीर लांब अनंतनाग मार्गान वचतले. 3,880 मीटर उंचायेच्या अमरनाथ देवळा कडेन वचपाची 38 दिसांची यात्रा फाल्यां दोनूय मार्गां वरवीं औपचारीकपणान सुरू जातली- अनंतनागांतलो पारंपारीक 48 किलोमीटर नुनवान-पहलगाम ट्रॅक आनी गंडरबलांतलो ल्हान पूण उंच 14 किलोमीटर बाल्टाल मार्ग. अंदूं 9 ऑगस्टाक श्रावण पूर्णिमे दिसा यात्रेचो समारोप जातलो. अंदूंच्या यात्रे खातीर आतां मेरेन 3.31 लाखां परस चड भक्तांनी नोंदणी केल्या जाल्यार जम्मू हांगाय ऑन-द-स्पॉट नोंदणी सुरू जाल्या, फाटल्या दोन दिसांत सुमार 4 हजार टोकन वांटल्यात.

NHAI – 45

अमरनाथ यात्रेच्या तयारेक वेग दिवपाखातीर आनी यात्रेकरूंची यात्रा सुरळीत जावची हे खातीर भारतीय राष्ट्रीय महामार्ग प्राधिकरणान (एनएचएआय) काल जम्मू-काश्मीरांतल्या अधिकाऱ्यां कडेन व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं नियाळ बसका घेतली. एनएच 44 महामार्गावेल्या जम्मू श्रीनगर या 228 किलोमीटर लांबीच्या रस्त्याच्या यात्रा मार्गाच्या सगळ्या भागांचो सविस्तर सविस्तर नियाळ घेतलो.

IMD – 50

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, उत्तर प्रदेश, मध्य प्रदेश आणि गुजरात, राजस्थान आणि महाराष्ट्राच्या कांय वाठारां सयत उत्तर आनी मध्य भारतांत पावसाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला. कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्रांतल्या काय सुवातींनीय आयज उटनगार ते अतिउटनगाराचो पावस पावस पडतलो. उदेंत भारतांत आयज अरुणाचल प्रदेश आनी ओडिशात अशीच हवामानाची परिस्थिती आसतली.

Cricket – 70

बायलांच्या टी-20 क्रिकेट माळेत काल रातीं ब्रिस्टलच्या काउंटी मैदानाचेर जाल्ल्या दुसऱ्या मॅचींत भारतीय पंगडान इंग्लंडाक 24 धांवड्यांनी हारयलो.पयली फलंदाजी करताना भारतान निर्धारित २० षटकांत ४ बाद १८१ धांवड्यो केल्ल्यो. अमनजोत कौर हिणे नाबाद ६३ धांवड्यो केल्यो. उपरांत इंग्लंड पंगडाक 7 बाद १५७ धांवड्योच करप शक्य जाले.

ह्या जैताक लागून भारतान ह्या खेळामाळेत आता २-० अशी आघाडी घेतल्या. खेळामाळेंतलो तिसरो खेळ शुक्रारा लंडनातल्या केनिंग्टन ओव्हल मैदानाचेर भारतीय वेळेप्रमाण राती ११क सुरू जातलो.

GST – 70

फाटल्या म्हयन्यांत भारताचे एकूण जीएसटी संकलन एक लाख ८४ हजार कोटी रुपयांपेक्षा चड आशिल्ले. फाटल्या वर्साच्या याच कालावधीपेक्षा हे संकलन ६.२ टक्के चड आसा. अर्थ मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण, महाराष्ट्रांत सगळ्यांत चड तीस हजार कोटी रुपयां जीएसटी संकलन जाला, जाल्यार कर्नाटकांत 13 हजार 409 कोटी रुपया एकठांय जाल्यात.२०२४-२५ या आर्थिक वर्षात एकूण जीएसटी संकलन २२.८ लाख कोटी रुपयांचेर पावला, जे २०२३-२४ या आर्थिक वरसाच्या तुलनेत ९.४ टक्के वाढ दाखयता.